**Panaji Regional 10th August 2025 7.25am**

**मराठी चित्रपट महोत्सवाचे - 150**

**१४ व्या गोंवा मराठी चित्रपट महोत्सवाचे उक्तावण काल पणजेत मुकेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्य हस्तुकी जाले. ह्यावेळार मराठी सिनेमा मळावेले अभिनेता, अभिनेत्री, दिगदर्शक, सिनेमा निर्माता हाजीर आशिल्ले. काल आनी आज अशे दोन दिस हो महोत्सव चलतलो. गोंयांत आयोजित जावपी मराठी चित्रपट महोत्सवाचे हे १४ वे वर्स, ह्या महोत्सवाक महाराश्ट्रासयत ,गोंयच्या सिनेमा रसिकांची गर्दी सदाच पळोवपाक मेळटा. फुडारात मराटी सिनेमा निर्मात्यांनी अशे सिनेमा तयार करतना गोंयच्या कलाकारं तशेंच टेक्निशियनांक घेवन सिनेमा निर्मीती करची अशे करीत जाल्यार तांका ह्या सिनेमाखातीर सराकराची खासा सवलत लेगीत मेळटली अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तशेच गोंयांत हिंदी बशेन मराटी सिनेमा मोठ्या प्रमाणात दांखवपाक जाय अशे तांणी म्हळा.पणजेत आयनोकसात ह्या महोत्सवाचो काल उक्तावण सुवाळो जालो. ह्यावेळरा गोंय मनरिजवण संस्थेच्यो उपाध्यक्षा डिलायला लोबो, पणजे म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात, तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. नामनेचे ज्येश्ट मराठी सिनेमा अभिनेता ड़ॉ. मोहन आगाशे हांका सिनेमा मळार ताच्या योगदानाकातीर कृतज्ञता पुरस्कार दिलो. जाल्यार महोत्सवाची सुरुवात निरवध ह्या मराठी सिनेमाच्या वर्लड प्रिमियरान जाली.**

**मंत्री निळकंठ - 100**

**नारळी पोर्णिमा म्हळयार सुता पुनवेच्या फांटभुयेर काल नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री निळकंठ हळणकार हांणी बेती दर्यात बोटीर वचुन विधीवत समुद्र पुजा केली. ह्यावेळार तांणी दर्याक नाल्ल ओपलो. ह्या वेळार नुस्तेमारी खात्याच्यो संचालिका शर्मिला मोन्तेरो, तशेंच खात्याचे सचिव प्रसन्न आचार्य ,पणजे म्हापालिकेचे मेयर रोहित मोन्सेरात तशेंच हेर मानेस्त हाजिर आशिल्ले.गोंयात जुन आनी जुलै ह्या दोन म्हयन्याच्या काळात नुसेतमारी बंदी आसता. ते उपरांत नारळी पोर्णिमेच्या शुभमुहुर्ताचेर नारळ ओपुन दर्याची पुजा केले उपरातं पारंपरीक रित्या नुस्तेमारीक**

सुरवात करपाची प्रथा आसा.  गोंयात ही पुजा करुन नुस्तेमारी करपी नुस्तेकारांक सुरक्षित दवर, तशेचं  नुस्तेमारी वेवसायत तका येस दि, तांची भरभराट कर अशे गाऱ्हाणे दर्याक काल हळंणकार हांणी घाले.

BJP – 65

13- 15 ऑागस्ट हया काळात हर घर तिरंगा हया उपक्रमावरवी प्रत्येक घरात तिरंगा लावपाची कार्यावळ जातली.  नागरीकांमदी देशभक्तीची  भावना निर्माण जावची हया हेतान हो उपक्रम चालीक लायला अशी म्हायती भारतीय जनता पार्टीचे प्रदेशाध्यक्ष  दामोदर नायक हांणी दिल्या. ते पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीशदे वेळार उलयताले. हर घर तिरंगा हया उपक्रमाक सदाच बरो प्रतिसाद मेळा. अंदुय तो मेळटलो असो विस्वास हया वेळार तांणी व्यक्त केला.

तिरंग  रॅलीचे योजन - 70

गोंय खेळा आनी युवा वेव्हार  संचालनालया वतीन काल सकाळी पणजे शारांत तिरंगा  रॅलीचे आयोजन केल्ले. हया वेळार  पणजेच्या  वेग वेगळ्या शाळातल्या विद्यात्यांनी हया  रॅलीत वाटो घेतिल्लो. जाल्यार  संचालक  अजय गावडे,तशेचं हेर मानेस्तांनी हांतुन वाटो घेतिल्लो.  हयावेळार  विद्यार्थ्यांनी वंदे मातरम, भारत माता की जय, जय जवान जय किसान अशे नारे दिले. हया शिवाय पणजे गोँय संगीत  म्हाविद्यालयान लेगीत हर घर तिरंगा  रेर्लीचे काल आयोजन केल्ले.

कोंकणी अकादमीचे कार्यावळी - 80

कोंकणी भास संविधानाचे आठवे वळेरेंत पावली तो दिस राज्यांत कोंकणी राष्ट्रमान्यताय दीस म्हूण मनयतात. हो दीस म्हळ्यार २० ऑगस्ट. हया निमतान माध्यमिक - उच्च माध्यमिक शाळांनी कोंकणी भासे संदर्भातल्यो तरेकवार कार्यावळी घडोवन हाडच्यो अशें आवाहन कोंकणी अकादमीचे अध्यक्ष डॉ. पूर्णानंद च्यारी हांणी केलां. दरेक शाळेच्या कोंकणी विभागान घोशणां , गीतां, गायन , कविता सादरीकरणाच्यो वा हेर तरेच्या सर्ती आनी कार्यावळी आयोजित करून हो जैताचो

आनी भोवमानाचो दीस मनोवचो अशें कोंकणी अकादमीन मांगला. सर्तीखातीरची इनामां कोंकणी अकादमी दितली अशेंय ह्या विशिंच्या खबरेंत म्हळां.

**Weather – 40**

गोय वेधशाळे प्रमाण फाटल्या २४ वरांत राज्यांत नैऋत्य मॉन्सून दुबळो आशिल्लो. राज्यात चडशा सुवातींनी हलको ते मध्यम पावस पडलो. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 30 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 2५ degrees celcius इतले आसतले.

**Sports – 10**

फुटबॉलांत मोहन बागान सुपरजायंट 134व्या दुरंड कप फुटबॉल सर्तीच्या क्वार्टर फायनलींत पावला.